गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 1 वर्स 2025**

**10/01/2025 दिसा प्रकाशीत**

सकयल दिल्ल्यां पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**प्रतिनियुक्तीचेर बदली केल्लीं पदां सोडून हेर सगळ्या पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 24-01- 2025 आसा.**

**फकत प्रतिनियुक्तीचेर बदली रुपान पदांचे अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 24/02/2025 आसा.**

ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचें संकेतथळ https://gpsc.goa.in वा गोंय सरकारचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

**टीप:1)** अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें, अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

**ए) ऑनलायन**

- ऑनलायन फारीकणी करची.
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

बी) ऑफलायन

- ई- चलन निर्माण करचें.
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फाट्यांत फकत निमणे तारखेक वा ताचें आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधताय ई-चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दिस मेरेन आसतली)
- ह्या ई- चलनाचेर बँकेचो शिक्को गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाचे निमणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई- चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणें तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज रोखडेंच न्हयकारतलें आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो नां.

4) अर्जात उमेदवाराचो ईमेल पत्तो आनी मोबायल क्रमांक चूकनासतना दिवपाक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल पत्त्याचेर/मोबायल क्रमांकातल्यान धाडटलें. सगळया उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचे ईमेल/खातें/ मोबायल फोन/आयोगाचें संकेतथळ नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

**टिप: जायरातीचे अणकारींत आवृत्तीत इंग्लीश आवृत्ती परस खंयच्योय विसंगती दिसल्यो जाल्यार त्यो प्रामाणीत मानतलें.**

## I. कार्मिक खातें

विधी खातें (कायदो वेव्हार) LAW DEPARTMENT (LEGAL AFFAIRS)

अवर सचीव (विधिमंडळ वेव्हार) प्रतिनियुक्तीचेर बदली वरवीं Under Secretary (Legislative Affairs) by Transfer on Deputation … 1 पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणी:** सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक –** केंद्र /राज्य सरकार/ केंद्र शासीत प्रदेशा अंतर्गत आशिल्ले अधिकारी: (अ) (i) नेमान अनुरुप पद धारण करपी वा(ii) वेतन 5500 – 175 – 9000 (पूर्व- सुदारीत ) वा तत्सम ह्या प्रमाणान पदाचेर 5 वर्सां नेमान सेवा केल्ली आसूंक जाय. आनी

ब) थेट भरती खातीर थारायिल्ली शिक्षणीक पात्रताय आनी अणभव आसप म्हणल्यार (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान कायद्याची पदवी वा तत्सम.

(ii) केंद्र/ राज्य सरकार खातें वा केंद्र शासीत प्रदेश प्रशासनांत कायदेशीर बाबींचो 7 वर्सांचो अणभव.

वा

(ii) वकील वा प्लीडर आशिल्लो आनी 4 वर्सांच्या काळा खातीर अशे तरेन काम केल्लो पात्र कायदो वेवसायीक आसूंक जाय.

टीप:(फीडर श्रेणींतले विभागीय अधिकारी जे थेट पदोन्नतीच्या पंगडांत आसात ते प्रतिनियुक्तीचे नेमणुके खातीर विचार करपाक पात्र थारचे नात. तशेंच प्रतिनियुक्तीवादी पदोन्नती खातीर विचार करपाक पात्र थारचे नात).(प्रतिनियुक्तीचो काळ सादारणपणान तीन वर्सां परस चड आसचो ना).

## II.गृह खातें(सामान्य)

### अभियोजन संचालनालय DIRECTORATE OF PROSECUTION

**सहायक सरकारी अभियोक्तो** Assistant Public Prosecutor ...14 पदां (1- एसटी, 5 ओबीसी, 1- ईडब्ल्यूएस, 7 अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणी:** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें.

पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक** – (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान कायद्याची पदवी वा तत्सम (ii) वकील म्हूण दोन वर्सां काम केल्ले आसूंक जाय. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक :– मराठीचें गिन्यान.

## III. गोंय गॅझेटीयर आनी इतिहासीक नोंदी

**सहाय्यक संशोधन अधिकारी** Assistant Research Officer ....1 पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणी:** रू. 9,300 – 34,800 + 4,200 (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 06 प्रमाणें) पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:**

**आवश्यक** – (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान भारतीय इतिहास वा राज्यशास्त्र वा समाजशास्त्र ह्या विशयांत उण्यांत उणीं द्वितीय श्रेणींतली पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम (ii) अभ्यासाच्या संबंदीत फांट्यांत संशोधन करपाच्या उण्यांत उणो एक वर्साचो अणभव आसूंक जाय. (हेर तरेन, बरे तरेन पात्र आशिल्ल्या उमेदवारांच्या बाबतींत आयोगाचे स्वेच्छेन शिथील करपा सारकी पात्रताय). (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक :– (i) इतिहास वा राज्यशास्त्र वा समाजशास्त्र ह्या विशयांत डॉक्टरेट पदवी. मराठीचें गिन्यान.